**मुख्य वेंचणूक अधिकाऱ्याच्या कार्यालया वतीन ईव्हीएम आनी व्हीव्हीपॅट प्रशिक्षण आनी जागरूकताय मोहीम**

5 मार्च 2024

मुख्य वेंचणूक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान येवपी लोकसभा वेंचणूकेच्या फांटभूंयेर इलेक्ट्रॉनिक मतदान यंत्रां (ईव्हीएम) आनी व्होटर व्हेरिफायेबल पेपर ऑडिट ट्रेल सिस्टम्स (व्हीव्हीपॅट) प्रशिक्षण आनी जागरूकताय मोहीम सुरू केल्या.

मुख्य वेंचणूक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान सगळ्यां चाळीसय विधानसभा मतदारसंघात, जिल्हाधिकारी आनी मामलेदार कार्यालयांत तशेंच विवीध भौशीक थळां आनी शिक्षणीक संस्थांनी प्रशिक्षण आनी जागरूकताय मोहीमेक सुरवात केल्या. मतदान यंत्रांविशीं मतदारांचो आत्मविस्वास वाडोवप, वेंचणूक प्रक्रियेतली पारदर्शकता वाडोवप आनी येवपी लोकसभा वेंचणूकेत मतदारांक सक्रिय वाटो घेवपाक प्रोत्साहन दिवप हो ह्या मोहीमेचो उद्देश आसा.

मतदारांक ईव्हीएम आनी व्हीव्हीपॅट मशीन वापराविशीं मार्गदर्शन करतात तशेंच प्रात्यक्षीकां करून दाखयतात. ईव्हीएम आनी व्हीव्हीपॅट प्रात्यक्षीक मोहीम 1 जानेवारी 2024 सावन सुरू जाल्या आनी ती येवपी लोकसभा वेंचणूक जाहीर जाय मेरेन चलतली. उत्तर गोंयांतल्या सुमार 25044 लोकांनी आनी दक्षीण गोंयांतल्या सुमार 12114 लोकांनी ईव्हीएम प्रात्यक्षीक केंद्रांचेर भेट दिवन मतदान प्रक्रियेची म्हायती जाणून घेतली. तशेंच सोशल मीडिया प्लॅटफॉर्म, वेबसाइट्स आनी डिजिटल माध्यमावरवीं . ईव्हीएम आनी व्हीव्हीपॅट विशीं लोकांमदी जागृताय करपात येता. भौशीक थळां आनी शिक्षणीक संस्थांनी पथनाट्य आनी स्किट्स सादर करून मतदान प्रक्रियेविशीं जागृताय करपात येता.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/152

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.